१३-१०-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

आंतरराश्ट्रीय पर्पल फेस्ट -

आंतरराश्ट्रीय पर्पल फेस्ट हे दीव्यांग व्यक्तींक समानता,संद आनी तांच्या सुप्तगुणांक माची दीवपी एक महत्वाची माची जाल्या अशें मत गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी उक्तायला. ते आंतरराश्ट्रीय पर्पल फेस्ट 2025च्या समारोप सुवाळ्यावेळार मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. जाल्यार मानाचे सोयरे म्हण हाजीर आशील्ले केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी purple fest पुरतीच दीव्यांग व्यक्तीवीशी चर्चा न जाता ताचेर फुडारात प्रत्यक्ष कृती जांवन दीव्यांग व्यक्तींच्या सक्षमीकरणाखातीर काम जावप महत्वाचे अशे म्हणला. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी purple festहे दीव्यांग व्यक्तींक उर्बा दीवपी तशेंच purple economy च्या नदरेतल्यान महत्वाचे थारला अशे म्हणले. देशाच्या उदरगतीत दीव्यांग व्यक्ती महत्वाचे योगदान दींवक शकता अशे तांणी म्हळा. purple fest हो फकत एक महोत्सव न्हंय जाल्यार ती एक चळवळ अशे उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांणी म्हळा. ह्यावेळार दीव्यांग व्यक्तीनी तरेकवार सांस्कृतीक कार्यावळी सादर केल्यो. 9ते12 ऑक्टोबर मजगती आयोजीत केल्ल्या ह्या महोत्सवात 45 देशातल्या सुमार 12 हजार प्रतीनीधींनी वाटो घेतील्लो. ह्या तीन दीसाच्या महोत्सवात दीव्यांग व्यक्तींच्या सक्षमीकरणा खातीर वेगवेगळी धोरणा आखपावीशी चर्चा जांवन संशोधनात्मक पेपर तयार केल्यात. हे शिवाय आधुनीक तंत्रगिन्यानाच्या माखनांचो दीव्यांगाखातीर उपलब्ध माखना , हेर साधन सुविधाचे प्रदर्शन ह्या महोत्सवात आयोजीत केल्ले.

फिल्मफेअर105

गोंयचे सूपूत आनी प्रतिभावान दिग्दर्शक आदित्य सुहास जांभळे हांका ‘आर्टिकल 370’ ह्या हिंदी चित्रपटा खातीर प्रतिश्ठीत फिल्मफेअरचो ‘उत्कृष्ट दिग्दर्शक

पदार्पणाखातीरचो' पुरस्कार मेळ्ळो. आदित्य जांभळे हे फिल्मफेअर पुरस्कार मेळोवपी पयलेच गोंयकार थारले. अहमदाबादांत 70 व्या फिल्मफेअर पुरस्कार सुवाळ्याचें आयोजन केल्लें. हे कार्यावळी वेळार तांणी हो पुरस्कार अभिनेतो अक्षय कुमार हांचे कडल्यान स्विकारलो. हे विशी उलयताना तांणी सांगले..... BYTE

Chartered accountant

---

आयज गोंयांत ICAI लोकसेवेंतल्या ICAI वांगड्यांची निवासी बसकेंत उलयतना प्रसार भारतीचे अध्यक्ष नवनीत कुमार सहगल हांणी, भारताचा अर्थवेवस्थेक संवसारभर नामना मेळटा अशे तांणी सांगले . संवसारांतली एक व्हडली अर्थवेवस्था आशिल्ली भारत सुमार 6.8 ते 7 टक्क्यांनी बळिश्ट गतींत वाडत आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें . हो दर हेर खंयच्याच व्हड अर्थवेवस्थे कडेन जुळना आनी भारता विशीं संवसारीक धारणा नेटान बदलत आसा, आनी आतां परदेशांतले लोक आमच्या देशाक चड तोखणायेन आनी आदरान पळयतात अशें तांणी सांगलें.विकसित भारताची दृश्टी साकार करपाक चार्टर्ड एकाउंटटांची भुमिका 2047 ह्या विशयाचेर ह्या वेळार तांणी भर दिलो . BYTE Navneet kumar

---

Rama kankonkar jawdekar 129

समाज वावुरपी रामा काणकोणकार हांणी पयली दिल्ल्या जापेंत खंयच्याच राजकारणाचो हल्ल्यांत हात आसा अशें म्हणूंक नाशिल्लें. मात तांणी आतां जाप बदल्ल्या. तांणी नव्यान केल्ल्या दाव्यां प्रमाण चवकशी करतले. रामा आनी ताच्या कुटुंबियांक पुलीस सुरक्षा दिल्या अशी म्हायती उतर गोंय पुलीस अधीक्षक राहुल गुप्ता हांणी दिली. हे विशीं तपासाची म्हायती दिवपा खातीर पुलीस महासंचालक आलोक कुमार हांणी पत्रकार परिशद घेतली. ह्या वेळार अधीक्षक गुप्ता हांणी ही म्हायती दिली. उपअधीक्षक तशेंच तपास अधिकारी सुदेश नायक आनी निरीक्षक विजयकुमार चोडणकारूय ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

हवामन -

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान ३३ अंश celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 अंश celcius इतले आसतले असो अदमास उक्तायला. राज्यात फुडले कांय दिस कांय वाठारांनी हल्को ते मध्यम स्वरुपाचो पावस पडपाचो अदमासूंय गोय वेधशाळेन उक्तायला.

Sports

गोय टेनिस बॉल क्रिकेट संघटनेन राष्ट्रीय सब जुनिअर १७ वर्सा पिराये सकयल्ल्या चले आनी चालियांच्या टेनिस बॉल क्रिकेट सर्ती खातीर पंगडांची निवड केल्या. ही सर्त १४ ते १७ ऑक्टोबराक राजस्थानातल्या दौसांत जातली.